Panaji

National News

14.05.2026 at 6.30 PM

## Pm

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या अबू धाबीत संयुक्त अरब अमिरात uaeचे राष्ट्रध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन झायद अल नाह्यान यांची भेट घेतले.या भेटीन भारत आणि uae आपली आदीच घटमुट आशिल्ली  भागीदारी मुखावेल्या पावंड्यार व्हरतले  . दोन्ही देशां/मदल्या वाढत्या उच्चस्तरीय संबंधांच्या फाट भुंयेर ही भेट जाता. यूएईच्या राष्ट्रध्यक्षांनी या वरसा जानेवारीत नवी दिल्लीक भेट दिली.  फाटल्या दशकातली ही त्यांची पाचवी भारत भेट, आणि यूएईचे राष्ट्रध्यक्ष म्हणून तिसरी भेट

## Brics

आज नवी दिल्लीत दोन दिसांच्या ब्रिक्स परराष्ट्र मंत्र्यांच्या बसकेची सुखात जाली. या बसकेचे अध्यक्षस्थानार परराष्ट्र मंत्री एस. जयशंकर  आशिल्ले. या बसकेत ब्रिक्स सदस्य देश आणि भागीदार राष्ट्रांचे परराष्ट्र मंत्री आणि प्रतिनिधी मंडळाच्या मुखेल्यांनी वाटो घेतला. बसकेवेळार परराष्ट्र मंत्री परस्पर हिताच्या जागतिक आणि प्रादेशिक मुद्द्यांचेर विचारांची देवाणघेवाण करतले.

आपल्या प्रास्ताविक उलोवपात परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी म्हणले की, जागतिक व्यवस्थे खातीर शांतता आणि सुरक्षा केंद्रस्थानार आसात.  हालीचो संघर्ष फक्त  संवाद आणि मुत्सद्देगिरीचे महत्त्व अधोरेखित करता. परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर यांनी बसकेच्या निमित्तान त्यांचे इंडोनेशियन समपदस्थ सुगिओनो यांची भेट घेतली. एका सोशल मीडिया पोस्टात ताणी म्हणाले की, त्यांनी भारत-इंडोनेशिया व्यापक सामरिक भागीदारीच्या प्रगतीचो आणि आग्नेय आशियाई राष्ट्रांच्या संघटने बरोबरच्या  सहकार्याचो  आढावो घेतलो  Byte.

## Ndrf

राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दल (NDRF) न फ क्त २० वर्षांच्या अल्प कालावधीत देशभरातल्या १४० कोटी लोकांचो  विश्वास मेळयला अशे गाझियाबाद हांगा राष्ट्रीय आपत्ती प्रतिसाद दलाच्या 'प्रेसिडेंट्स कलर' पुरस्कार सुवाळ्यात उलयताना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी म्हळे.खंयच्याय  दला खातीर 'प्रेसिडेंट्स कलर' हो सन्मान मेळोवप ही अत्यंत अभिमानाची बाब अशे ताणी म्हळे

## Announcement

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम- ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश- कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

## Sports

आयपीएल क्रिकेटात, आज सांजे 7.30 क धरमशालात पंजाब किंग्स मुंबई इंडियन्सआड खेळतलो. काल रातीं रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून कोलकाता नाइट रायडर्साचेर स विकेटींनी जैत melayle

## Weather

भारतिय हवामान खात्यान आयज अस्तंत मध्य प्रदेश आनी अस्तंत आनी उदेंत राजस्थान, गुजरात आनी महाराष्ट्राच्या कांय वाठारांनी खर उश्णतायेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला . कोंकण आनी गोंयांत उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

तशेंच आयज ईशान्य भारत, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, केरळ, माहे, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा कांय वाठारांनी घोग्यांनी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला